आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

28 April 2025

6.30pm

## इंडो फ्रांस राफेल

भारतान आयज फ्रांसाकडेन संरक्षण कबलात करून, 26 राफेल समुद्री झुजारी विमानां विकतीं घेतल्यात. संरक्षण मंत्रालय आनी फ्रेंच सरकारी अधिकाऱ्यांच्या हाजिरेंत, नवी दिल्लींत ही कबलात जाली. 26 राफेल समुद्री विमानांतली 22 एक सीटर आनी चार दोन सीटर आसतली. भारतीय नौदळाच्या गरजा प्रमाण हीं डिझायन करून तयार करतले. राफेल मरीन विमानांक लागून, नौदलाचें बळगें आनीक वाडटलें आनी हीं झुजारी विमानां INS विक्रमादित्य आनी INS विक्रांत ह्या विमानवाहक जहाजांनी वापरतले. राफेलांत प्रगत शस्त्र प्रणाली आनी क्षेपणास्त्रां आसतलीं.

## जेके असेम्ब्ली

जम्मू-काश्मीर विधानसभेन आयज, पहलगामांत 22 एप्रीलाक, 26 पर्यटकांक मरण आयिल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो निशेध करपा खातीर, खर उतरांचो थाराव पास केलो. तीन वरां चर्चे उपरांत, ह्या हल्ल्याचें घृणास्पद, अमानवीय आनी कायरपणाचो अशे वर्णन करपी थाराव, सभाघरान एकमतान मांडलो, अशें आकाशवाणीच्या जम्मू खबरकारांन सांगला. "ह्या सभाघरान निरपराधी लोकांचो जीव वगडावपी घृणास्पद, कृतीचो निशेध केला. अशीं आतंकवादी कृत्यां, काश्मीरीयतची आचार-संहिता, संविधानांत मुल्या, एकचार आनी शांततायेच्या भावनेचेर थेट हल्लो आसा," अशें थारावांत म्हणलां. तशेंच आतंकवादी हल्ल्या वेळार पर्यटकांक वाचवपाखातीर, सैयद आदिल हुसेनान केल्ल्या पराक्रमी यत्नांची याद करून, ताच्या सर्वोच्च बलिदानाक नमन केले. फुडल्या पिळगे खातीर हे कार्य सदाच प्रेरणा दीतले, अशें म्हणलां. मुख्यमंत्री उमर अब्दुल्ला, उपमुख्यमंत्री सुरिंदर चौधरी, पीपल्स कॉन्फरन्साचे फुडारी सज्जाद ग़नी लोन, काँग्रेसीचे फुडारी गुलाम अहमद मीर, सीपीआय

फुडारी एम. वाय. तारिगामी, पीडीपीचे फुडारी वहीद-उर-रेहमान पर्रा आनी हेरांनी हे चर्चेंत वांटो घेतलो.

भाजपा काँग्रेस

जम्मू-काश्मीरांत पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या संबंदी, कांय काँग्रेस फुडाऱ्यांच्या विधानांचो भाजपान निशेध केला. नवी दिल्लींत मिडियाक संबोधीत करतना, भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी रविशंकर प्रसाद हांणी सांगलें, की काय काँग्रेस फुडारी बळी पडिल्ल्या लोकांच्या दाव्याचेर प्रस्नचिन्न उबो करता. काँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी मणि शंकर आययर हाणें म्हळां, कि आमी अजूनय फाळणेच्या प्रभावा वांगडा जियेतात, अशें सांगलें. अशी विधानां देशाच्या भावनांक दुख दिता आनी ती असंवेदनशील आसात, अशें प्रसाद हांणी म्हणलें. भारताचो एकचार घटमूट करपा खातीर, अशा फुडाऱ्यां आड कारवाय करची, अशी मागणी भाजपान काँग्रेसीच्या मुखेल्यान केल्या.

काश्मीर आतंकवाद

काश्मीरान आतंकवाद सुरू जाले उपरांत, पयलेच खेपे पहलगाम हल्ल्या उपरांत, आतंकवादाचेर बंड केलां, अशें जम्मू-काश्मीराचे मुख्यमंत्री उमर अब्दुल्ला हांणी सांगलां. आयज जम्मू-काश्मीर विधानसभेच्या खाशेल्या अधिवेशनांत उलयतना, मुख्यमंत्र्यानी पुराय वाठारांत आपशींच दुख्ख आनी निशेध जावन, आतंकवाद सोंपोवची सुरवात जाल्ल्याची, तोखणाय केली. लोक एकवटीत उबे रावतले तेन्नाच, आतंकवाद सोंपतलो, अशी आस्त अब्दुल्ला हांणी उक्तायली.

जम्मू शाळा वेळ

जम्मू आनी काश्मीरांत शाळा शिक्षण संचालनालयान, जम्मू विभागाच्या उमाशेच्या वाठारां खातीर शाळेंच्या वेळेत बदल करपाची घोशणा केल्या. आयज जारी केल्ल्या आदेशा प्रमाण, उच्च माध्यमीक पांवड्या मेरेन सगळयो सरकारी आनी मान्यताय मेळिल्ली खाजगी शाळा, आतां सकाळीं 8:00 ते दनपारां 2:00 मेरेन चलतल्यो. नवो वेळ 1 मे सावन लागू जातलो आनी 30 सप्टेंबर मेरेन आसतलो.

न्यायालय तहववूर राणा –

हालींच अमेरिकेंतल्यान भारतात हाडील्ल्या, मुंबय आतंकवादी हल्ल्याचो मास्टरमाइंड, तहवूर हुसेन राणाक आयज खाशेल्या राष्ट्रीय तपासणी एजन्सीच्या न्यायालयांत हाजीर केलो. आतां केंद्रीय एजन्सी कडल्यान, चवकशी चालू दवरपा खातीर आनीक 12 दीस पुलीस ताब्यांत दवरपाची मागणी केल्या. दिल्ली पटियाला हाऊस कोर्टान, हो आदेश राखून दवरला. ताणें 18 दिसांचो NIA रिमांड पुराय केला.

राजीव रंजन सिंह -

नुस्तेमारी क्षेत्रांत देशाची निर्यात दुपेटीन करपा खातीर, भारतान उत्पादनांत मोल जोडपाचेर आनी मुळावी बांदावळ घटमूट करपाचेर लक्ष केंद्रीत करपाची गरज आसा, अशें मत केंद्रीय नुस्तेमारी आनी पशुपालन मंत्री राजीव रंजन सिंग हांणी उक्तायलां. मंत्री सिंग आयज मुंबयंत जाल्ले 'कोस्टल स्टेट्स मीट 2025'चें उक्तावण केलें उपरांत उलयताले. ह्यावेळार संबोधीत करतना तांणी सांगलें, की भारत सध्या संवसारीक पांवड्यार नुस्तेमारी उत्पादनांत दुसरे सुवातेर आसा. 2023-24 वर्सा 184 पूज्य 02 लाख टन उत्पादन जावन, भारताचो वट्ट संवसारीक उत्पादनांत 8% वांटो आसा.

आयपीएल-

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत, आयज सांजे, जयपूरांतल्या सवाई मानसिंह स्टेडियमांत, येजमान राजस्थान रॉयल्स आनी गुजरात टायटन्स हांचे मदीं, खेळ जातलो. सांजे 7.30 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा. पांच मॅचींनी जैत मेळूंक नाशिल्ल्यान, रॉयल्स पंगड सध्या गूण तालिकेत 4 गूण घेवन णव्या क्रमांकाचेर आसा. जाल्यार, आदली चॅम्पियन गुजरात टायटन्स 12 गूण घेवन, गूण तालिकेत दुसरो क्रमांक मेळोवन, सेगीत तिसरे जैत मेळोवपाखातीर खेळतली.

नमस्कार